०७.०३.०२०२५ सकाळी ८.४० वरां

आकाशवाणी पणजी

राष्ट्रीय खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज सावन गुजरात आनी केंद्र शासित प्रदेश दादरा आनी नगर हवेली तशेच दमन आनी दीवच्या दोन दिसांचा भेटीर आसतले. ह्या भेटी वेळार प्रधानमंत्री मोदी गुजरातांतल्या सूरत आनी नवसारी आनी दमनांतल्या सिल्वासा हांगा वेगवेगळ्या कार्यावळींक हाजीर रावतले. प्रधानमंत्री आयज सकाळीं दादरा आनी नगर हवेली आनी दमन आनी दीवक भेट दितले आनी दमन दिऊ आनी दादरा नगर हवेली हांगाच्या सिल्वासांत 2,587 कोटी रुपयांच्या वेगवेगळ्या प्रकल्पांचें उक्तावण करतले तशेच बुन्यादी फातर घालतले. ते सिलवासा हांगा भौशीक बसकेंतय मर्ग्दर्शन करतले. उपरांत प्रधानमंत्री सूरतात  अन्न सुरक्षा संतृप्ती मोहीम सुरू करतले. सुरतांतल्या सुमार 2 लाख लावार्थ्यांक प्रधानमंत्री गरीब कल्याण अन्न येवजणे खाला फायदे मेळटले. फाल्यां आंतरराष्ट्रीय बायलां दिसा निमतान प्रधानमंत्री मोदी नवसारींतल्या 'लखपती दीदी सम्मेलनाक' हाजीर रावतले. प्रधानमंत्री 25 हजारां परस चड आप मजत गटांतल्यान 2.5 लाख बायलांक 450 कोटी रुपया वयर मजत दितले
- भारताच्या कामगिरी आनी येसस्वीपणाक लागून संवसारभर आशेची नवी ल्हार निर्माण जाल्या अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. हे भारताचे युग आशिल्ल्याचे पुराय संवसार म्हणटा अशे प्रधानमंत्र्यानी सांगले. भारत आयज संवसारीक वाड घडोवन हाडटा आनी उदरगतीच्या मार्गाचेर चड नेटान वता अशे नवी दिल्लींत खाजगी खबरां चॅनलान आयोजीत केल्ल्या कार्यावळीत उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. आयचो भारत व्हड विचार करता, महत्वाकांक्षी लक्ष्य थारायता आनी उल्लेखनीय कामगिरी करता अशेय ताणी मुखार म्हळे. फाटल्या दशकांत भारत पांचवी व्हड अर्थवेवस्था जाल्या आनी आतां संवसारांतली तिसरी व्हड अर्थवेवस्था जावपाचे दिकेन

नेटान वता अशेय प्रधानम्नत्र्यानी सांगले. फाटल्या धा वर्सांत भारत संवसारांतलो दुसरो व्हडलो तिख्या उत्पादक, दुसरो व्हडलो मोबायल फोन निर्मातो आनी तिसरो व्हडलो स्टार्टअप इकोसिस्टम जाला अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी फुडें उक्तायलें. सौर उर्जेचे क्षमतेन भारत पयल्या पांच देशां मदीं आशिल्याचे तांणी सांगलें.

- गोयात पशुवैजकिय सहय्याकच्यो सुवातो कंत्राति पद्ध्तिन भरतले तशेच गोंयात कंपनीनी वा हेर भरती खातीर जायरात दीतना रोजगार विनीमय केंद्राक म्हायती दींवक ना जाल्यार 5 ते 30 हजार रूपया दंड दीवपाचो निर्णय आयच्या मंत्रीमंडळाच्या बसकेत जाला.गोंयकारांक खाजगी मळार रोजगाराची संद मेळपाक जाय ह्या हेतान हो निर्णय घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.
- आयज जन औषधी दिवस. हे येवजणे विशीं जागृताय करपा खातीर आनी जेनेरिक वखदांचो वापर करपाक प्रोत्साहन दिवपा खातीर हो दीस मनयतात. दर्जेदार जेनेरिक वखदां सगळ्यांक परवडपी दरांत उपलब्ध करपाचो हेतू आशिल्ल्यान प्रधानमंत्री भारतीय जनौषधी परियोजना म्हळ्यार PMBJP चो हेतू दर्जेदार जेनेरिक वखदां परवडपी दरांत उपलब्ध करपाचो आसा. रसायन आनी सारें मंत्रालयान ह्या उपक्रमाक आदार दिवपा खातीर देशभरांत सप्तकभर कार्यावळी घडोवन हाडल्यो अशें आमच्या खबराकारान कळयलां. प्रधानमंत्री भारतीय जनौषधी केंद्र नांवान समर्पीत दुकानावरवी भौसाक परवडपी दरांत दर्जेदार वखदां दिवपा खातीर नोव्हेंबर 2008 वर्सा प्रधानमंत्री भारतीय जनौषधी परियोजनेची सुरवात जाली.
- भारतीय हवामान खात्यान अरुणाचल प्रदेश, आसाम आनी मेघालय, नागालॅंड, मणिपूर, मिझोराम आनी सिक्किमांत कांय सुवातानी वीज पडपा सयत गडगडपाचो अदमास उक्तायला. भारतीय हवामान खात्याच्या म्हणण्या प्रमाण फुडल्या 3 ते 4 दिसांत उत्तर-अस्तंत, मध्य भारत आनी गुजरातातल्या चडांत चड तापमानांत ल्हव ल्हव 3 ते 5 डिग्री सेल्सियस वाड जावपाची शक्यताय आसा. भारतीय हवामान खात्यान कोंकण आनी गोंय, केरळ आनी

माहे, दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, दर्यादेगेवेलो आंध्र प्रदेश आनी यानम हांचेर कांय सुवातानी उश्ण आनी दमट हवामान आसपाचो अदमास उक्तायला.

- साहित्य अकादेमी आयज सावन 12 मार्च मेरेन आशियांतलो सगळ्यांत व्हडलो साहित्य महोत्सव - साहित्योत्सव घडोवन हाडटली. स दिसांच्या ह्या कार्यावळीचें उक्तावण आयज केंद्रीय संस्कृती मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत नवी दिल्लीच्या रवींद्र भवनांत करतले. 50 परस चड भासांचें प्रतिनिधित्व करपी देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांतले 700 वयर लेखक ह्या महोत्सवांत वांटो घेतले. महोत्सवांत प्रतिश्ठीत साहित्य अकादेमी पुरस्कार 23 भाशांनी दितले. ह्या कार्यावळींत सुमार 120 सत्रां आसतलीं. ह्या महोत्सवाचो विशय भारतीय साहित्यीक परंपरा आसा.
- जम्मू-काश्मीरांत फाटल्या चार वर्सांत जम्मूच्या तुळेंत काश्मीर देगणांत 80 टक्के उणे पर्यटक आयल्यात. मुख्यमंत्री उमर अब्दुल्ला हांणी ब्रेस्तारा विधानसभेंत सादर केल्ल्या अर्थीक सर्वेक्षणांत 2024-25 वर्सा जम्मूंत 1 कोटी 6 लाख 50 हजार 757 पर्यटक पावले जाल्यार काश्मीरांत 6 लाख 65 हजार 777पर्यटक पावले अशें आकाशवाणी जम्मू खबराकारान सांगले. 2021 वर्सा वट्ट 1 कोटी 13 लाख 16 हजार आनी 534 पर्यटकानी जम्मू-काश्मीराक भेट दिल्ल्याचें सर्वेक्षणांतल्यान स्पश्ट जालां.
- जम्मू-काश्मीर विधानसभेचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन जम्मूत सुरू आसा. अर्थ खातें सांबाळपी मुख्यमंत्री उमर अब्दुल्ला आयज विधानसभेंत अर्थसंकल्प सादर करतले.
- महाराष्ट्रांतल्या पालघर जिल्ह्यांतल्या झाई गांवांतले चार नुस्तेकारांक बोटीच्या अपघातांत बुडून मरण आयले. गुजरात दर्यादेगेर दर्यांत नुस्तें मारतना तांच्या बोटीक अपघात जालो.
- संवसारीक ऑडियोव्हिज्युअल मनरिजवण श्खर परिशद (WAVES) 2025 नवोदित डीजे, निर्माते आनी इलेक्ट्रॉनीक संगीत कलाकारांक इलेक्ट्रॉनीक संगीत आनी डीजे कलेच्या मळार आपली प्रतिभा दाखोवपाची संद दिता. भारतीय संगीत उद्देगाच्या (आयएमआय) सहकार्यान म्हायती आनी प्रसारण

मंत्रालय (आय अँड बी) 'रेझोनेट: द ईडीएम चॅलेंज' ही सर्त घडोवन हाडल्या. ह्या सर्तिचो हेतु क्रिएट इन इंडिया चॅलेंजाचो एक भाग म्हूण घडोवन सृजनशील प्रतिभा आनी नवनिर्माण दृश्य-श्रव्य आनी मनरिजवणेच्या संवसारांत उक्ती करपाचोआसा. इलॅक्ट्रॉनीक डान्स म्युझिक (ईडीएम) रचपाचो आनी निर्मितीचो आदलो अणभव आशिल्ल्या खंयच्याय देशांतल्या कलाकारांक, संगीतकारांक, आनी कलाकारांक ही सर्त उक्ती आसा.

- केंद्रीय घर राज्यमंत्री नित्यानंद राय हांणी काल नवी दिल्लींत आदिवासी युवा आदान प्रदान कार्यावळी खाला सुमार 200 आदिवासी तरणाट्यां कडेन संवाद सादलो. छत्तीसगढ आनी ओडिशा ह्या आदिवासी जिल्ह्यांतले हे तरणाटे सध्या राष्ट्रीय राजधानीचे भोंवडेर आसात. देशांतल्या डावपेचवादी अतिरेकाचो परिणाम जाल्ल्या जिल्ह्यांनी खूब उदरगतीचें काम जालां अशे ह्या आदिवासी तरणाट्यां कडेन संवाद सादतना केंद्रीय मंत्री हांणी सांगलें.
- मेक्सिको आनी कॅनडांतल्यान येवपी मालाचेर 25 टक्के शुल्क लावपाचो निर्णय अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी एक म्हयन्या खातीर फुडें धुकलला. मेक्सिकन वस्तूंचेर हालींच घाल्ली शुल्क 2 एप्रील मेरेन थांबयतले अशे मेक्सिकोचे राष्ट्राध्यक्ष क्लाउडिया शेनबाम हांचे कडेन उलोवणी केल्या उपरांत ट्रम्प हांणी सांगलें. सध्या खातीर अमेरिका, मेक्सिको आनी कॅनडा हांचे मदल्या उत्तर अमेरिकेच्या वेपार भागीदारी खाला येवपी वेपाराचेर नवे शुल्क लादचे नात अशें श्री ट्रम्प हांणी सांगलें.
- बायलां प्रिमियर लीग (डब्ल्यूपीएल) क्रिकेट सर्तींत काल रातीं लखनौंत मुंबय इंडियन्सान यूपी वॉरियर्सांक 6 विकेटींनी हारयले. आयज लखनौत गुजरात जायंटस दिल्ली कॅपिटल्साआड सांजे 07:30 वरांचेर खेळ जातलो.